१७-०१-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो:

मुख्यमंत्री - 60

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल सचीवालय प्रकल्पांतल्या नुतनीकरण केल्ल्या तीन कार्यालयांचे उक्तावण केले. कायदो आनी न्याय विभाग, कायदो (आस्थापन) विभाग आनी शिश्टाचार आनी सरबराय विभाग ह्या नुतनीकरण केल्ल्या कार्यालयांचे उक्तावण केले.

मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू, आयुक्त/सचीव (कायदो आनी न्याय विभाग) संदीप जॅकीस, शिश्टाचार सचीव संजीत रॉड्रिग्स, अवर सचीव श्रेया डिसिल्वा, जोड सचीव अंजू केरकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

बीजेपी - 80

भाजप प्रदेश अध्यक्ष पदाच्या वेचणूकीचे कामकाज राश्टीय भाजप सरचिटणिस सुनील बन्सल हांच्या अध्यक्षतायेखाला जातली. भाजप प्रदेश अध्यक्ष पदाखातीर आयज अर्ज भरपाची प्रक्रीया जातली.,जाल्यार शेनवारा पणजे गोमंन्त मराठा समाज सभाघरात जावपी भाजप कार्यकर्ता मेळाव्यावेळार निवड जाल्ल्या गोंय भाजप प्रदेशअध्यक्षाच्या नावाची अधिकृतरीपणान घोशणा जातली तशेंच राश्टीय प्रदेश अध्यक्षाच्या वेचणुकेखातीर मतदान करपाक गोंयच्या 3 भाजप फुडाऱ्यांची ह्यावेळार निवड जातली अशी म्हायती प्रेमानंन्द म्हांबरे हांणी दील्या.पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले. सुनील बन्सल हे गोंय भेटीदरम्यान भाजपाच्या सुकाणु समितीवांगडा बसका घेतले अशीय म्हायती तांणी ह्यावेळार दील्या.

गोय हस्तकला म्हामंडळ - 120

गोय हस्तकला म्हामंडळावतीन आयज राज्यातल्या चिकण मातयेच्यो मुर्त्यो करपी 369 कलाकारांक हस्तकला म्हामंडळाच्या येवजणेप्रमाण सवलतीच्या निधीचे वाटपा केले.हे खातीर सुमार एक कोटी रूपया खर्च केल्यात अशी म्हायती हस्तकला म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी दील्या.प्रत्येक गणपतेच्या मुर्ती चेर 200 रूपया प्रती नग ह्या प्रमाण हस्तकला म्हामंडळ सवलत दीता.सगळ्यात चड बिचोलेचे मुर्तिकार लाभार्थी आसा अशे तांणी सांगले,

हे शिवाय कलाकारांक उर्बा दीवपाखातीर म्हापसा तशेंच पेडणे हांगा अपरांन्त मांण्ड दालन मार्च मेरेन उबारतले ,ह्या दालनाचेर कलाकाराकारिंक ताच्यो वस्तु वानाशुल्क दवरून विकपाक माची दीतले अशी म्हायती आर्लेकार हांणी ह्यावेळार दीली.

मडगाव शिगमोत्सव अध्यक्षपदार आमदार दिगंबर कामत, कार्निव्हल समितीच्या अध्यक्षपदार नगरसेवक बार्रेटो हांची निवड - 70

मडगाव : मडगाव शिगमोत्सव समितीचे अध्यक्ष म्हणून मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांची जाल्यार कार्निवल समितीचे अध्यक्ष नगरसेवक कामिल बार्रेटो हांची निवड जाल्या.

मडगाव पालिकेची आज जालले खाशेले बसकेत या दोनय नावाचेर एकमत जाले.

ही कार्निवल आणि शिगमो मिरवणूक होली स्पिरिट चर्च ते मडगाव पालिका या मार्गावेल्यान काडपाचो निर्णय हे बसकेत घेतलो.

या दोन्ही समितीच्या हेर वांगड्यांची नावा रोखडीच निश्चित करून पर्यटन खात्याक ताचो अहवाल धाडून दितले अशी माहिती नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर हाणी दिली.

फळदेसाय - १७०

दर्जेदार आनी ब-या साहित्याक लिपीचो आडसर नासता. लिपी हे माध्यम आसले तरी साहित्यिक दर्जो-संपादन करुन राष्ट्रीय पावंड्यार आपली कोंकणीची गुढी

उबारुंक शकता. तेखातीर व्यापक वाचन, मनन हेवरवी साहित्यनिर्मिती हे मुखेल मुद्दे आसात. दाल्गादो कोकणी अकादमीन तरनाट्या लेखकांखातीर अकॅडेमिक स्वरूपाच्या कार्यावळींचेर भर दिवचो, अशे आवाहन तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्राचे संचालक डॉ. पांडुरंग फळदेसाय हांणी केले.

दाल्गादो कोंकणी अकादेमीने पिलार हांगासरल्या फादर आग्नेल महाविद्यालयात आयोजित केल्ल्या आठव्या रोमी लिपीतल्या लेखकांच्या संमेलनात मुखेल सोयरे म्हूण ते उलयताले. लिपीवाद हो दुय्यम आनी तात्कालीक विषय आसा. पूण दर्जेदार साहित्य निर्मीती होच महत्वाचो मुद्दो आसा, अशें तांणी हेवेळार सांगले.

संमेलनाचे अद्यक्ष वितोरीन कुलास हांणी दर्जेदार साहित्याच्या वाचनान आपणे आत्मविश्वास संपादन केला अशें म्हळे. सगळ्या नव्या लेखकांनी साहित्याचे बरे वाचन करून आपल्या साहित्याची निर्मिती करची अशें आवाहन तांणी हेवेळार केले. संमेलनाचे अध्यक्ष वितोरिनो कुलास आनी सगळ्या मानेस्तांच्या हस्तुकी दीप प्रज्वलन करून हे कार्यावळीचे उक्तावणे जाले. अकादेमीचे सचिव फादर मायरन बाऱ्हेटो हांणी येवकार दिलो. ब्रागांझा आफोंस हांणी आभार मानले. अकादमीचे उपाध्यक्ष विल्यम फर्नांडिस हेयी माचीयेर हजर आशिल्ले.
संमेलनाच्या उपरांतच्या सत्रांत वेगवेगळ्या साहित्यिक विषयांचेर चर्चासत्रा जाली.